29TH April 2026 7.25am

Ganesh -

गोंय सरकारान मागणी केल्या प्रमाण केंद्र सरकारान बंगळूरू - मडगाव मार्गाचेर वंदे भारत रेल्वेक मान्यताय दिल्या. ह्या रेल्वेक लागून पर्यटनासयत राज्याच्या अर्थ वेवस्थेक उर्बा मेळटली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. आस्वासना प्रमाण वंदे भारत रेल्वेक मान्यताय दिल्यान, ताणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी केंद्र सरकारचे आभार मानल्या. केंद्रीय अर्थसंकल्पा पयली, गोंय सरकारान विविध मागण्यासंबंधी केंद्राक निवेदन सादर केल्ले. हातूत गोंया खातीर वंदे भारत रेल्वेचो आस्पाव आशिल्लो. वंदे भारत रेल्वेक लागून प्रवासाची वेळ, सरासरी 45 टक्के उणी जाता.

Dip

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आयज, सांजेच्या 5.30 वराचेर पर्वरे हांगाच्या, नवीन बाजार प्रकल्पात, येरादारी खात्याच्या नव्या मुखेल कार्यालयाचें उक्तावण जातलें. ह्या नवीन कार्यालयांत वाहनांची नोंदणी, परमीट, वाहन परवानो आनी खात्याच्यो हेर सेवा सुरळीत जावपाक मजत जातली. तशेंच लोकांक ऑनलायन सेवांचोय लाव घेवपाक सोपे जातले. कार्यालयाच्या उक्तावण कार्यावळीक येरादारी मंत्री. मॉविन गुदिन्हो, पर्यटन मंत्री. रोहन खंवटे, येरादारी सचीव महेश कुमार शंभू, येरादारी संचालक पी. प्रविमल अभिषेक आनी हेर अधिकारी आनी मानेस्त उपस्थित आसतले.

पशूवैजकी म्हाविद्यालय -

कुट्टींतल्या पशूचिकीत्सा म्हाविद्यालयाक केंद्र सरकारान मान्यताय दिल्या. पशू वैजकी आनी पशू चिकित्सा पदवी अभ्यासक्रमाक मान्यताय दिवपी पत्र केंद्र सरकारान, गोंय सरकाराक धाडला. हे अभ्यासक्रमा खातीर कुट्टी हांगा जागो निश्चीत जाला. कॅम्पस उबारपा सयत शिक्षक आनी कर्मचाऱ्यांची नेमणूक करपाची प्रक्रिया सुरू जाल्या. अंदू सावन 40 विद्यार्थ्यांक प्रवेश दिवपाक सुरवात जातली, अशी म्हायती हे पयलीच मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. भारतीय पशूवैजकी परिशदेन, जागो तशेच हेर सुविधांची पळोवणी केल्या. परिशदेन मान्यताय दिले उपरान, केंद्र सरकारान म्हाविद्यालयाक मान्यताय दिल्या.

Ganesh -

बोंडला अभयारण्यांत रानवटी जनावरां खातीर वर्साक 50 लाखाचे खाण लागतले. खाणा खातीर 50 लाखाची निविदा जारी जाल्या. बोंडला अभयारण्यांतल्या जनावरांक तशेंच वाटयल्ल्या जनावरांक बीफ, भाजीपालो  ह्या सारकिल्ल्या नाशवंत खाद्यपदार्थाची पुरवण करपा खातीर उप वनपालेचे कचेरेन अर्ज मागयल्यात. मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, सगळ्यात चड पुरवण ही भाजीपाल्याची आसा. हातूंत दर दिसाक, ७५ किल इतली पुरवण जातली.

Mahesh

गोंय वेवसायीक सुरक्षीतताय आनी भलायकी प्रदर्शन आनी शिखर परिशद 2026 ची दुसरी आवृत्ती, आयज बांबोळे डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी इंडोर स्टेडियमांत सुरू जातली. 29 आनी 30 एप्रीलाक जावपी ह्या दोन दिसांच्या कार्यावळींत, अधिक सुरक्षित गोया खातीर उद्योगपती, धोरणकर्ते आणि सुरक्षा व्यावसायिकांक एकठाय हाडटले. ह्या प्रदर्शनांत तज्ज्ञांची सत्रां, पॅनल चर्चा, थेट प्रात्यक्षिक आनी बी टू बी नेटवर्किंग संद आसतली. रस्त्याची सुरक्षीतताय, हवामान आनी भलायकी, कामाच्या सुवातेर बरी भलायकी, कार्यक्षमताय आनी उद्देगीक नितळसाण, अशे मुखेल मुद्द्यांचेर लक्ष केंद्रीत करतले. ह्या शिखर सभेंक भेट दिवप्यांक, थेट प्रात्यक्षिकांचो अणभव घेवपाची संद मेळटली, अशें आयोजकांनी सांगलें.

Subhash -

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळान पयर जाहीर केल्ल्या, धावेच्या निकाला उपरांत, कांय महत्वाच्या तारखांची घोशणा केल्या. सगळ्या मान्यताय पात्र माध्यमीक शाळांच्या मुख्याध्यापकांनी, बोर्ड पोर्टला वयल्यान, एकत्रीत निकाल पत्रक डावनलोड करचें, अशें मंडळान कळींत केलां. विद्यार्थ्यांच्या नांवांत, जल्म तारखेत, विशयांत वा वर्गांत कसलीय चूक मेळ्ळी जाल्यार, शाळा मुखेल्यान रोखडीच ईमेल वरवीं मंडळा कडेन संपर्क सादचो. आपल्या गूणांची खात्री करपाक वा परतून मूल्यमापन करपाक सोदपी विद्यार्थ्यां खातीर, ऑनलायन अर्ज प्रक्रिया सुरू जाल्या. मार्च २०२६ धावेची परिक्षा पास जावंक नाशिल्ल्या विद्यार्थ्यांची, दुसरी परिक्षा सुमार ६ जून २०२६ सावन सुरू जातली. ह्या परीक्षे खातीरचे अर्ज संबंधित शाळा मुख्याध्यापका वरवीं सादर करचे, अशें मंडळ सचीव विद्यादत्त बी नायक हांणी कळीत केलां.

SUSHANT

सेंट फ्रान्सिस झेवियर हांची निंदा करपी भाशण बरोवन दिल्ल्याच्या आरोपाखाला, गोंय क्राईम ब्रँचान अटक केल्ल्या माधव खट्टर हाका, वास्को न्यायालयान १० हजार रुपयांच्या जामिनाचेर मुक्त केलो. काल ह्या अर्जाचेर वास्को न्यायालयात, सुनावणी जाली. हे भाशण माधव खट्टर हाणे बरोवन दिल्ल्याचो एकय पुरावो, पोलीस न्यायालयात सादर करुंक शकले नात. ह्याखातीर ताका जामीन मंजूर केलो, अशी म्हायती खट्टर हाचे वकील अमेय प्रभूदेसाय हांणी दिली. माधव खट्टर हो गौतम खट्टर हाचो भाव आसा. कांय दिसा आदी, गोंय पुलिसानी ताका हरिद्वार हांगा अटक केल्ली.

DIP

गोंय विद्यापिठाच्या पृथ्वी, समुद्र आनी वातावरणीय विज्ञान विभागान, हवामान आनी तापमान शाखांतल्या कुशळ वेवसायिक/मनिसबळा खातीरची वाडटी जागतिक मागणी पुर्ण करपा खातीर, वातावरणीय विज्ञानात विशेश एम.एससी. अभ्यासक्रम सुरू केला. हवामानात सध्या सेगीत आनी खर बदल जायत आसात. विद्यार्थ्यांक हवामानाचो अचुक अंदाज घेवपाक, आनी आपत्ती वेवस्थापना खातीर आवश्यक आशिल्लें शास्त्रीय गिन्यान आनी तांत्रिकी कुशळटाय दिवपा खातीर, हो अभ्यासक्रम तयार केला.

Sports

DSC AIFF जुनियर फुटबॉल सर्तीची निमणी साखळी फेरी, ३ ते १४ मेक गोयांत जातली. बांबोळेच्या अटल स्टेडियमचेर ३० आणि ३१ मेक तिसरी राष्ट्रीय बायला मास्टर्स एथलेटिक सरत जातली.

एक कळोवणी -

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार, ३० एप्रिल  मेरेन अर्ज करू शकतात.

वेदर -

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.9 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 28 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.